**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं कनिश्ठ श्रेणी अधिकाऱ्यां खातीरच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण**

ता. 20 सप्टेंबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पोरण्या गोंया गोंय लोकसेवा प्रशिक्षण संस्थेत कनिश्ठ श्रेणी अधिकाऱ्यांखातीर (डीवाय. एसपी.) आयोजीत प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण केले. तशेंच ह्या वेळार प्रशिक्षण पुर्ण केल्ल्या गोंय नागरी सेवेतल्या कनिश्ठ श्रेणी अधिकाऱ्यांक निरोप दिलो.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान गोंय राज्यांक आत्मनिर्भर करपा खातीर सरकारान स्वयंपुर्ण गोंय कार्यावळ सुरू केल्ल्याचे सांगून हे उद्दीश्ट पुर्ण करपा खातीर सरकारान आपल्या यंत्रणांक कामांक लायला तशेंच सरकारी अधिकाऱ्यांची स्वयंपुर्ण मित्र म्हुण नेमणूक केल्ली आसा, अशें सांगलें.

स्वयंपुर्ण मित्र समर्पितपणान सेवेवरवीं गरजू लोकांक मदत करपाचे काम करतात. स्वयंपुर्ण गोंयचे उद्दीश्ट साध्य करपाखातीर प्रशिक्षण पुर्ण केल्ल्या अधिकाऱ्यांनीय आपले योगदान दिवचे. भारत देश स्वतंत्रतायेचे 75 वे वर्स जाल्यार गोंय आपल्या मुक्तीचे 60 वे वर्स मनयता. आमी लोकांक बरी सेवा दिवपा खातीर काम करपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्य सचीव श्री. परिमल राय हांणी ह्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाचो फायदो अधिकाऱ्यांक आपले कर्तव्य निभावताना जातलो म्हणपाचे सांगून अधिकाऱ्यांनी लोकांक योग्य आनी बरी सेवा दिवन आपल्या कर्तव्याक जागपाक सांगलें.

पुलीस म्हासंचालक श्री. मुकेश कुमार मिना हांणी पुलीस अधिकाऱ्यांखातीर प्रशिक्षण कार्यावळ आयोजीत केल्ले खातीर जीपार्ड संस्थेचे अभिनंदन करून प्रशासकीय कामाखातीर अशें प्रशिक्षण म्हत्वाचे आशिल्ल्याचे म्हणलें.

ह्या वेळार कार्मिक खात्याच्यो जोड सचीव श्रीमती मेघना शेटगांवकर, जीपार्डा चे संचालक संजय गिहार, पालवी संचालक श्रीमती सिमा फर्नांडिस आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना / विगां/ 2021/775

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji